# आयओसी आनी एचपीसी प्रकल्पात 29 ऑगस्टाक मॉकड्रील

ता. 27 ऑगस्ट 2018
5 श्रावण 1940

दक्षिण गोंय जिल्होधिकारी आनी दक्षिण गोंय आपतकाळ उपाय येवजण समितीचे अध्यक्ष डॉ. तारीक थॉमस हांणी ता. 29 ऑगस्ट 2008 दिसा सकाळी 10.30 ते दनपरा 12.00 वरांमजगती वास्कोच्या इंडियन ऑईल कॉर्पोरेशन आनी हिंदुस्थान पेट्रोलियम कॉर्पोरेशन प्रकल्पात कवायत प्रात्यक्षिक 'मॉकड्रील' कार्यक्रमाचे आयोजन करपाचो निर्णय घेतला.

आणिबाणीच्या वेळार घेवपाच्या उपायांविशी लोकांमदी जाग्रृती करपाखातीर अशा कवायत प्रात्यक्षिका करपात येता.

मॉकड्रील कार्यक्रमाच्या काळात एफ. एल. गोम्स रस्त्यावयली येरादारी स्वतंत्र पथ मार्गान वळयतले आनी तेखातीर लोकांनी संबंदीत यंत्रणांक सहकार्य करचे.

दक्षिण गोंय आपतकालीन उपाय येवजण पंगडान हालीच जुवारी ॲग्रो कॅमिकल्स, जुवारी इंडियन ऑईल प्रकल्पात मॉकड्रील कवायत कार्यक्रम यशस्वीपणान घडोवन हाडला.